14 January 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- भारताक जलवायू स्मार्ट राष्ट्र म्हूण मुखार हाडपाखातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मिशन मॉसमाचो, शुभारंभ करतले.
- ओडिशा हे, आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजण चालीक लावपी राज्यामदी, आस्पवित जाला.
- उत्सवांच्या फाटभुयेर, फाल्यां जावपा आशिल्ली यूजीसी नेट डिसेंबर 2024 परिक्षा, राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन फुडें धुकलल्या.
- सिंगापूरचे राष्ट्रपती थर्मन शनमुग-रत्नम आयज सावन, पांच दिसांच्या भारत भेटेर येतले.
- काल रातीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या, खो खो विश्वचषकाचे उक्तावण सर्तींत, भारतान नेपाळाचेर 42-37 जैत जोडले.

मिशन मॉसम

भारतीय हवामान खात्याच्या 150व्या स्थापणूक दिसा निमतान आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नवी दिल्लीच्या भारत मंडपम हांगा मिशन मॉसमाची सुरवात करतले.

हवामान पळोवणीचें अत्याधुनीक तंत्रगिन्यान आनी प्रणाली विकसीत करून, देशाक दर एका हवामानाखातीर स्मार्ट करपाचो हेतू आसा. तशेंच ह्या उपक्रमांत उच्च रिझोल्यूशनाचे वातावरणीय निरिक्षण, next-generation रडार आनी उपगिरे, आनी उच्च कार्यक्षमताय आशिल्ले संगणक चालीक लावपाक मेळटले. तशेंच हवामानाची लवचीकता आनी हवामान बदल अनुकूलताये खातीर आयएमडी व्हिजन-2047 दस्तावेज प्रधानमंत्री जाहीर करतले. तातूंत हवामान

अदमास, हवामान वेवस्थापन, हवामान बदल कमी करपा खातीर येवजण्यो आसपावीत केल्यात.

**AYUSHMAN BHARAT-ODISHA**

आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजण (AB PM-JAY) चालीक लावपी ओडिशा 34 वे राज्य आनी केंद्रशासीत प्रदेश जाला. हे येवजणे खाला दरेका कुटुंबाक दुय्यम आनी तृतीयक जतनाय हॉस्पिटलांत दाखल करपा खातीर वर्साक पांच लाख रुपया भलायकी कव्हर दितात. राष्ट्रीय भलायकी प्राधिकरण आनी भलायकी आनी कुटुंब कल्याण खात्यान आनी ओडिशा सरकारान काल नवी दिल्लींत हे संबंदी समन्वय पत्राचेर सय केली. आयुष्मान भारत येवजणे खाला आठ कोटी वयर हॉस्पिटलांत दाखल जाल्ल्याची नोंद जाल्या. तशेंच येवजणेच्या आदारान भलायकी सुविधा मेळपाक लागून देशांतल्या भितरल्या वाठारांनी हॉस्पिटलांत दाखल जावपामदी खुब वाड जाल्या अशें ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय भलायकी मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी सांगलें. भारतांतली 45 टक्के लोकसंख्या हे येवजणे खाला आस्पावता अशें तांणी सांगलें. लोक केंद्रीत येवजण्यो वेंचपाक राजकी अहंकार मदी येवंक फावना अशेंय मंत्री नड्डा हांणी सांगलें.

ही येवजण आतां मेरेन चालीक लावपाक दिल्ली आनी अस्तंत बंगाल उरलां.

NET December 2024

फाल्यां जावपा आशिल्ली यूजीसी नेट डिसेंबर 2024 परिक्षा राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन फुडें धुकलल्या. 15 जानेवारीक पोंगल, मकर संक्रांती आनी हेर महोत्सवांक लागून युजीसी नेट परिक्षा फुडें धुकलपा खातीर मागळ्यो आयल्यात अशें एनटीएन निवेदनांत म्हणलां. परिक्षेची नवी तारीक बेगीनूच जाहीर जातली. 16 जानेवारीक आशिल्ली परिक्षा आदल्या वेळापत्रका प्रमाणच जातली अशें एनटीएन फुडें सांगलें.

**PREZ SINGAPORE – INDIA**

सिंगापूरचे राष्ट्राध्यक्ष थर्मन शनमुगररत्नम आयज सावन पांच दिसांच्या भारत भेटेर आसतले. ताचे वांगडा मंत्री, संसद वांगडी आनी अधिकारी हांचे सयत उच्च पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ आसतलें. सिंगापूरचे राष्ट्राध्यक्ष म्हूण तांची ही पयलीच भारत भेट आसतली.

ह्या भेटी वेळार राष्ट्राध्यक्ष थर्मन भारताच्यो राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे कडेन चर्चा करतले. तांच्या सन्मानार्थ आयज मेजवानीचे आयोजन करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सिंगापूरच्या राष्ट्राध्यक्षांकडेन बसका घेतले. राष्ट्राध्यक्ष थर्मन ह्या म्हयन्याच्या 17 आनी 18 तारकेक ओडिशाकय भेट दितले.

भारत आनी सिंगापूर हांचे मदीं इश्टागत, विस्वास आनी परस्पर आदर हांच्या परंपरेचेर आदारिल्लो व्हड सहकार आसा. राष्ट्राध्यक्ष थर्मन हांच्या ह्या भेटेक लागून दोनूय राश्ट्रां मदल्या द्विपक्षीय संबंदांक आनीक गती मेळटली असो अदमास आसा. भारत आनी सिंगापूर हांचे मदीं राजनयिक संबंद स्थापन जाल्ल्या 60व्या वर्साच्या उत्सवाकय हे भेटींवरवी सुरवात जातली.

Prime Minister Lohri

काल दिल्लीच्या नारायणा वाठारांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोहरी उत्सवांत वांटो घेतलो. वेगवेगळ्या थरांतले लोक, खास करून तरणाटे आनी बायलो ह्या उत्सवांत वांटेकार जाल्ल्यो. जायत्या जाणांक, खास करून उत्तर भारतांतल्या लोकां खातीर लोहरीचें खाशेलें म्हत्व आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें. हो उत्सव नूतनीकरण आनी आशेचें प्रतीक अशें तांणी सांगलें. ताचो संबंद शेती आनी देशांतल्या कश्ट करपी शेतकारां कडेनय आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्र्यानी मुखार सांगले.

परराश्ट्र मंत्री जयशंकर -

परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी, स्पेनाचे परराश्ट्र मंत्री जोसेफ मॅन्युएल आल्बारेसा हांचे कडेन काल, माद्रिदांत उलोवप केले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी सांगलें, कि वेपार, गुंतवणूक, संरक्षण, शार उदरगत, रेल्वे आनी हेर गजालीं सयत द्विपक्षीय भागीदारीचेर तांणी, उत्पादक संवाद सादलो. भारत आनी युरोपीय संघटनेचे संबंद घटमूट करपा खातीर, आनी विस्वासांत घेवपा सारको भूंयमध्य दर्याचो भागीदार म्हूण, भारत, स्पेनाचो आदर करता अशें मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें.

महाकुंभ

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत मकर संक्रांती अमृत स्नान सुरू आसा. 13 आखाड्यामदीं दरेका आखाड्याक आपलो थारायिल्लो वेळ आनी क्रम कळयला. त्रिवेणी संगमांत महानिर्वाणी पंचायती आखाडा पयली पवित्र न्हाण करतले आनी पवित्र स्नान करपी निमाणो श्री पंचायती आखारा निर्मल आसतलो. ह्या भव्य कार्यावळी खातीर सुरक्षेची विस्तारान वेवस्था केल्या.

काल पौष पूर्णिमे दिसा संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक मेळावो महाकुंभ सुरू जाल्ल्यान एक कोटी पन्नास लाखां वयर भक्त आनी यात्रेकरुंनी पवित्र न्हाण केले. हेलिकॉप्टरांतल्यान भक्तांचेर फुलांच्यो पाकळ्यो उडयल्यो. महाकुंभ 26 फेब्रुवारी म्हळ्यार महाशिवरात्रि मेरेन चालू उरतलो.

Country's net direct tax collection

देशाची निव्वळ प्रत्यक्ष कर वसुली सुमार 16 टक्क्यांनी वाडून चालू अर्थीक वर्सा आतां मेरेन सुमार 16 लाख 90 हजार कोटी रुपया जाल्या. केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण एकूण प्रत्यक्ष कर वसुलींतय सुमार 20 टक्क्यांची

प्रभावी वाड जाल्या आनी ती 20 लाख कोटी रुपयां वयर आसा. फाटल्या वित्तीय वर्सा ह्याच काळांत सुमार 17 लाख कोटी रुपया एकठांय केल्ल्यान ही म्हत्वाची वाड जाल्या.

खो खो -

खो खो विश्वचषकाचे उक्तावण सर्तींत, काल रातीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या, अ गट सामन्यांत, भारतान नेपाळाक 42-37 अशे हरोवन, जैतान आपली मोहीम सुरू केली. ही मॅच एक रोमांचक सर्त थारली. भारतीय दादल्यांच्या पंगडा तल्यान, आदित्य गणपुलेक best player of the match आनी शिवा रेड्डीक best attacker of the match फावो जालो. जाल्यार, नेपाळचो रोहित कुमार हाका बेस्ट डिफेंडर ऑफ द मॅच फावो जालो.

आयएसएल फुटबॉल -

इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) फुटबॉल सर्तींत, केरळ ब्लास्टर्स फुटबॉल क्लबान काल रातीं, कोचींतल्या ओडिशा फुटबॉल क्लबाचेर 3-2 अशे, जैत मेळयलें. निमाण्या 30 मिनटांनी, तीन गॉल करून ब्लास्टर्सान 1-0 अशी तूट उलटयली. दुखापत वेळेच्या पांचव्या मिणटार, डाव्या वटेनच्यान बळिश्ट स्ट्रायक करून, सदाऊ-ईन जैत मेळयलें आनी केरळाक 16 मॅचींनी 20 गूण मेळोवन, आठवे सुवातेर पावयलो. केरळ ब्लास्टर्स 18 जानेवारीक, नॉर्थईस्ट युनायटेड एफसी कडेन जाल्यार ओडिशा 22 जानेवारीक, बेंगळुरू एफसी कडेन खेळटलो. आयज गुवाहाटीच्या indira गांधी एथलेटिक स्टेडियमांत, नॉर्थईस्ट युनायटेड एफसी, एफसी गोवा कडेन झुजतलो. सांजे 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

टेनिस ऑस्ट्रेलियन -

ऑस्ट्रेलियन ओपन दादल्यांच्या दोट्टी टेनिस सर्तींत, भारतीय टेनिस स्टार रोहन बोपान्ना, आपलो कोलंबियाचो निकोलस बॅरि-एंटोस हांचेवांगडा, आयज खिताब राखपाक खेळटलो. मेलबर्न पार्कांत जावपी सुरवातीच्या फेरयेंतल्या मॅचींत, पेद्रू मार्टिनेज आनी जौमे मुनार ह्या स्पेनाच्या जोडये आड, तांचो खेळ जातलो. फाल्यां भारताची दोट्टी मोहीम आनीक वाडटली, कारण रित्विक चौधरी बोलिपल्ली, एन. श्रीराम बालाजी, आनी युकी भांबरी आपापल्या मॅचींत खेळटले. मजगतीं, अंदूंच्या ऑस्ट्रेलियन ओपनांत, खंयच्याच भारतीय बायलेक पात्रताय मेळूंक नाशिल्ल्यान, बायलांच्या सर्तींत, देशाच्या प्रतिनिधीत्वांत फरक पडलो.

**IMD – WEATHER**

भारतीय हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, आनी उत्तर प्रदेशांतल्या जायत्या वाठारांनी रातच्या वेळार आनी फातोडेर दाट धुकें पडपाचो तशेच हिमाचल प्रदेशातल्या कांय वाठारानी शियेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. फुडले कांय दीस राजस्थान, बिहार, उत्तराखंड, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तर उदेंत राज्यांनी अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

कोमोरीन वाठार आनी ताच्या लागसारल्या वाठारानी चक्रीवादळ आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. ताच्या प्रभावा खाला ह्या म्हयन्याच्या सोळा तारखेमेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, तमिळनाडूच्या कांय सुवातानी गडगडपा वांगडा हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो -

- भारताक जलवायू स्मार्ट राष्ट्र म्हूण मुखार हाडपाखातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मिशन मॉसमाचो, शुभारंभ करतले.
- ओडिशा हे, आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजण चालीक लावपी राज्यामदी, आस्पवित जाला.
- उत्सवांच्या फाटभुयेर, फाल्यां जावपा आशिल्ली यूजीसी नेट डिसेंबर 2024 परिक्षा, राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन फुडें धुकलल्या.
- सिंगापूरचे राष्ट्रपती थर्मन शनमुग-रत्नम आयज सावन, पांच दिसांच्या भारत भेटेर येतले.
- काल रातीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या, खो खो विश्वचषकाचे उक्तावण सर्तींत, भारतान नेपाळाचेर 42-37 जैत जोडले.

--------------